# कोरोना दुयेंसाबाबतीत प्रवास करप्यांक केंद्रीय भलायकी मंत्रालयाचो सल्लो

ता. 03 मार्च 2020

चीन आनी हेर देशांनी पातळील्ल्या कोरोना व्हायरस दुयेंसाबाबतीत केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान चीनांत प्रवास करपी प्रवाशांनी खबरदारी घेवपाचो सल्लो दिला. भारतीय नागरिकांनी चीनांत प्रवास करपाचे टाळपाचो सल्लो दिला. चीनांत प्रवास करून परत येवपी प्रवाशांक वेगळें दवरपाची वेवस्था करतले. तशेंच चीनांतल्यान भारतात भेट दिवपाक सोदप्यांनी नोंद घेवची की चीनांतल्यान येवपी खंयच्याच वेदेशी नागरीक प्रवाशाखातीर सध्याची व्हिजा (ह्या पयली जारी केल्ल्या व्हिजा सयत) ग्राह्य आसची ना. इत्सुक प्रवाशांनी भारतीय व्हिजा खातीर नवीन अर्ज करपाखातीर बिजिंगातल्या दुतावासाकडेन ( visa. Beijing@mea.gov.in ) वा शांगायच्या ( ccons.shanghai@mea.gov.in )आनी गोंजावच्या ( visa.guangzhou@mea.gov.in) कोन्सुलेटाकडेन संपर्क करचो. चीनांतल्या भारतीय दुतावासाचे हॉटलायन नंबर ( +8618610952903, +8618612083629 ) चोवीस वरां चालू आसात, तशेंच email helpdesk.beijing@mea.gov.in चेर मदती खातीर संपर्क करपाक जाता.

तशेंच भारतीय नागरिकांनी गरज नासतना सिंगापूर, कोरिया, ईरान आनी इटली देशांत प्रवास करपाचे टाळचे. सिंगापूर, कोरिया, ईरान आनी इटली देशांतल्यान प्रवास करून भारतात येवपी लोकांक 14 दीस वेगळे दवरून तपासणी करतले. भलायकेविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार लोकांनी भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या +91-11-23978046 ह्या हेल्पलायन नंबराचेर वा ncov2019@gmail.com ह्या इमेलाचेर भेट दिवची.

तशेंच ह्या देशांनी प्रवास करपाक लागपी व्यक्तिंनी नितळसाण राखप, साबणान हात धुवप, खोकताना तोंड धापप, थंडी, खोकली, नाक वाव्हपी वा दुयेंत आशिल्ल्या मनशाच्या संपर्कात येवपाचे टाळप, जनावरांच्या संपर्कात येवपाचे टाळप, हरवे वा कमी शिजयिल्ले मांस खावपाचे टाळप, फार्म, जनांवरांचो बाजार वा जनांवरां मारपाच्या जाग्यार वचपाचे टाळप, थंडी वा नाक वाव्हता आसत जाल्यार मास्क वापरपाची गरज आसा.

भारतात परत येतना विमानात तुमकां दुयेंत दिसता आसत जाल्यार दुयेंसाविशीं विमानातल्या कर्मचाऱ्यांक म्हायती दिवची, मास्क बांदचो आनी दुयेंसाविशीं म्हायती दिवपाचो अर्ज भरचो, कुटुंबातल्या सदस्यांकडेन वा सांगाती प्रवाशांकडेन संपर्क टाळचो, विमान कर्मचाऱ्यांकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, तत्काळ विमानतळ भलायकी अधिकाऱ्यांक/देशांतर कार्यालयाक कळोवचे आनी 011-23978046 ह्या हेल्पलायनीचेर संपर्क करचो.

तशेंच कोरोना दुयेंस पातळील्ल्या देशातल्या प्रवास करून आयले उपरांतच्या 28 दिसांच्या काळांत दुयेंस दिसता आसत जाल्यार 011-23978046 ह्या हेल्पलायनीचेर संपर्क करचो, घर आनी हेरांपासून वेगळो रावचो, स्वता नितळसाण राखची, साबणान परतपरत हात धुवचे, खोकताना तोंड धापचे आनी लागीच्या भलायकी केंद्रात वा हॉस्पिटलात संपर्क करचो

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/201

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय
भारत सरकार

Government of Goa

# करोनाव्हायरस संक्रमणाचो धोको उणो करात


## ह्यो म्हत्त्वपूर्ण जतनायो घेयात




शाबू आनी उदकान परथून परथून हात धुवात




खांकतना आनी शिंकतना, लेंस (हातरुमाल), टिश्यू वा कोंपरान तोंड आनी नाक धांपात




थंडी, खोंकली वा फ्लू सारकी लक्षणां आशिल्ल्या कोणाय वांगडा लागींचो संपर्क टाळात



जर तुमकां खोकली, जोर वा श्वासोच्छवास करपाक त्रास जाता, जाल्यार तत्काळ दोतोराकडेन संपर्क सादात

**स्वताची राखण करात!** **करोनाव्हायरसापसून सुरक्षीत रावात!**

जर तुमी 15 जानेर उपरांत वुहान, चीन साकून परतल्यात, जाल्यार 2019-nCov खातीर स्वताची चांचणी करून घेयात, चांचणी केंद्रांविशीं जाणून घेवपाखातीर, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हॅल्पलायनीक कॉल करात

जर तुमी फाटल्या 15 दिसांत चिनांतल्यान परत आयल्यात, वा करोनाव्हायरस जाल्ल्या खंयच्याय व्यक्तीवांगडा संपर्कांत आयल्यात, जाल्यार हेरांवांगडचो तुमचो संपर्क मर्यादीत करात आनी न्हिदपाखातीर वेगळी कूड वापरात

चिनांतल्यान परतल्याच्या 28 दिसांभितर जर तुमकां जोर, खोकली आनी श्वासोच्छवासांत त्रास जावपाक लागलो, जाल्यार तत्काळ भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हॅल्पलायनीक कॉल करात

24X7 **+91-11-23978046 /104**

www.mohfw.nic.in
www.mygov.in
www.pmindia.gov.in

YouTube mohfwindia
@MoHFW_INDIA

http://ncdc.gov.in/
@director_NCDC


*Printed by:* **Integrated Disease Surveillance Programme**, Directorate of Health Services,Goa

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय
भारत सरकार

Government of Goa

# करोनाव्हायरस संक्रमणाचो धोको उणो करात

## ह्यो म्हत्त्वपूर्ण जतनायो घेयात







खोकली आनी शिंक हांचे उपरांत




संडास वापरल्या उपरांत




दुयेंताची जतनाय घेवंचे पयलीं आनी ताचे उपरांत तमचे हात लीप करात




रांदचे पयलीं, रांदल्या उपरांत आनी जेवण करचे पयलीं



जर तुमकां खोकली, जोर वा श्वासोच्छवास करपाक त्रास जाता, जाल्यार तत्काळ दोतोराकडेन संपर्क सादात

## स्वताची राखण करात! करोनाव्हायरसापसून सुरक्षीत रावात!

जर तुमी 15 जानेर उपरांत वुहान, चीन सावून परतल्यात, जाल्यार 2019-nCov खातीर स्वताची चांचणी करून घेयात. चांचणी केंद्रांविशीं जाणून घेवपाखातीर, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हॅल्पलायनीक कॉल करात

जर तुमी फाटल्या 15 दिसांत चिनांतल्यान परत आयल्यात, वा करोनाव्हायरस जाल्ल्या खंयच्याय व्यक्तीवांगडा संपर्कांत आयल्यात, जाल्यार हेरांवांगडचो तुमचो संपर्क मर्यादीत करात आनी न्हिंवपाखातीर वेगळी कूड वापरात

चिनांतल्यान परतल्याच्या 28 दिसांभितर जर तुमकां जोर, खोकली आनी श्वासोच्छवासांत त्रास जावपाक लागलो, जाल्यार तत्काळ भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हॅल्पलायनीक कॉल करात

24X7 **+91-11-23978046 /104**

www.mohfw.nic.in
www.mygov.in
www.pmindia.gov.in

YouTube mohfwindia
@MoHFW_INDIA

http://ncdc.gov.in/
@director_NCDC

*Printed by:* **Integrated Disease Surveillance Programme**, Directorate of Health Services,Goa

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय
भारत सरकार

Government of Goa

# करोनाव्हायरस संक्रमणाचो धोको उणो करात
## ह्यो म्हत्त्वपूर्ण जतनायो घेयात

करोनाव्हायरस हो एक नवो रोग आसा, जो चिनांत पातळतत आसा आनी हेर देशांचेरूय ताचो परिणाम जाला. ह्या व्हायरसाची फ्लू सारकी लक्षणां आसात, जशे:



1. जोर
2. खोकली
3. श्वासोच्छवासांत त्रास



- जर तुमीं 15 जानेर उपरांत वुहान, चीन साकून परतल्यात, जाल्यार 2019-nCov खातीर स्वताची चांचणी करून घेयात. चांचणी केंद्रांविशी जाणून घेवपाखातीर, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हेल्पलायनीक कॉल करात 24*7 +91-11-23978046/ 104
- जर तुमीं फांटल्या 15 दिसांत चिनांतल्यान परत आयल्यात, वा करोनाव्हायरस जाल्ल्या खंयच्याय व्यक्तीवांगडा संपर्कांत आयल्यात, जाल्यार हेरांवांगडचो तुमचो संपर्क मर्यादीत करात आनी ही म्हत्त्वपूर्ण पावलां उखलात:




1. फुडले 14 दीस सगल्यांवांगडा संपर्क मर्यादीत करात आनी वेगळ्या कुडींत न्हिदात
2. खांकतना आनी शिंकतना, लेंस (हातरुमाल), टिश्यू वा कोंपरान तोंड आनी नाक धांपात
3. शाबू आनी उदकान परथून परथून हात धुवात
4. थंडी, खोंकली वा फ्लू सारकी लक्षणां आशिल्ल्या कोणाय वांगडा लागींचो संपर्क टाळात

- चिनांतल्यान परतल्याच्या 28 दिसांभितर जर तुमकां जोर, खोकली आनी श्वासोच्छवासांत त्रास जावपाक लागलो, जाल्यार तत्काळ भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हेल्पलायनीक कॉल करात

24X7 **+91-11-23978046 /104**



जर तुमकां खोकली, जोर वा श्वासोच्छवास करपाक त्रास जाता, जाल्यार तत्काळ दोतोराकडेन संपर्क सादात

**स्वताची राखण करात! करोनाव्हायरसापसून सुरक्षीत रावात!**

www.mohfw.nic.in
www.mygov.in
www.pmindia.gov.in

YouTube mohfwindia
@MoHFW_INDIA

http://ncdc.gov.in/
@director_NCDC

*Printed by:* **Integrated Disease Surveillance Programme**, Directorate of Health Services,Goa

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय
भारत सरकार

Government of Goa

# करोनाव्हायरस संक्रमणाचो धोको उणो करात
## ह्यो म्हत्त्वपूर्ण जतनायो घेयात



तुमकां जोर आनी खोकली आसत, जाल्यार प्रवास करप टाळात




शाबू आनी उदकान परथून परथून हात धुवात




तुमच्या प्रवासाच्या इतिहासाची म्हायती तुमच्या भलायकी सेवा पुरवणकर्त्यावांगडा वाटून घेयात ( एएनएम)



जर तुमकां खोकली, जोर वा श्वासोच्छवास करपाक त्रास जाता, जाल्यार तत्काळ दोतोराकडेन संपर्क सादात

## स्वताची राखण करात! करोनाव्हायरसापसून सुरक्षीत रावात!

जर तुमी 15 जानेर उपरांत वुहान, चीन सोडून परतल्यात, जाल्यार 2019-nCov खातीर स्वताची चांचणी करून घेयात. चांचणी केंद्रांविशीं जाणून घेवपाखातीर, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हेल्पलायनीक कॉल करात

जर तुमी फाटल्या 15 दिसांत चिनांतल्यान परत आयल्यात, वा करोनाव्हायरस जाल्ल्या खंयच्याय व्यक्तींवांगडा संपर्कांत आयल्यात, जाल्यार हेरांवांगडचो तुमचो संपर्क मर्यादीत करात आनी न्हिदपाखातीर वेगळी कूड वापरात

चिनांतल्यान परतल्याच्या 28 दिसांभितर जर तुमकां जोर, खोकली आनी श्वासोच्छवासांत त्रास जावपाक लागलो, जाल्यार तत्काळ भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय हेल्पलायनीक कॉल करात


24X7 **+91-11-23978046 /104**

www.mohfw.nic.in
www.mygov.in
www.pmindia.gov.in

YouTube mohfwindia
@MoHFW_INDIA

http://ncdc.gov.in/
@director_NCDC

*Printed by:* **Integrated Disease Surveillance Programme**, Directorate of Health Services,Goa




DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA